**दुखनिवारक काळजी विशयाचेर कार्यशाळा**

ता. 29 एप्रिल 2022

भलायकी सेवा संचालनालयान फाल्या ता. 30 एप्रिल 2022 दिसा इंटरनॅशनल सेंटर, दोनापावला हांगा "दुखनिवारक काळजी" विशयाचेर कार्यशाळा आयोजीत केल्या. कार्यशाळेत दुख कमी करपाचे उपाय, दुखीची लक्षणां, संवाद आनी काळजी हाचेर भर आसतलो.

पुण्यातली ज्येश्ठ दुखनिवारक काळजी दोतोर प्रियदर्शनी कुलकर्णी, बंगळूरच्या करूणाश्रयच्यो वांगडी संचालक डॉ. सिमा राव, गोंयच्यो ज्येश्ठ वैजकी ऑन्कोलोजिस्ट डॉ. अनुपमा बोरकर, नर्सिंग ट्युटर संगीता एन. कार्यशाळेत मार्गदर्शन करतली.

भलायकी सेवा संचालनालयाचे दोतोर आनी कर्मचारी, खाजगी दोतोर, एनजीओ आनी भलायकीची काळजी घेवपी वेवसायिकांक दुखनिवारक काळजीविशीं मार्गदर्शन करप हो कार्यशाळेचो उद्देश आसा.

भलायकी सेवा संचालनालयाच्यो संचालक डॉ. गीता काकोडकर आनी मुख्य वैजकी अधिकारी डॉ. रूपा नाईक हांच्या मार्गदर्शनाखाला कार्यशाळा जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/309

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji